प्रादेशिक खबरो

०६.०१.२०२५ @ ७.२५

राजनाथ 80

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी काल गोंयात प्रदूषण नियंत्रण जहाज समुद्र प्रतापचे उक्तावण केले. Bytes हे तटरक्षक दलाचे पयले स्वदेशी बनावटीचे जहाज आसा. हे जहाज दर्या प्रदुशण नियंत्रण नेम, सोद आनी बचाव कार्यात मजत करतले आनी देशाच्या खासा आर्थिक क्षेत्राचे संरक्षण सुनिश्चित करतले .सुमार ११५ मीटर लांबायेचे, हे जहाजाचे 70 टक्क्यांपरस चड घटक स्वदेशी बनावटीचे आसात आनी तातूंत हेलिकॉप्टर हॅन्गर आसात जें ताची कार्यक्षमताय वाडयतात. ह्या वेळार संरक्षण मंत्र्यान देशाच्या सामुहीक संकल्पाचें आनी दर्यावेल्या आत्मविस्वासाचें प्रतीक म्हणून ह्या तारवाची तोखणाय केली. bytes

रश्मी 40

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांच्या हस्तुकी गोवा शिपयार्ड लिमिटेडात आयसीजीएस समुद्र प्रतापचे कार्यान्वयन हो स्वदेशी जहाजबांधणी मळार एक महत्त्वचो पावन्डो आसा जाकालगून भारतीय तटरक्षक दलाची कार्यक्षमता वाडटली आनी दर्या सुरक्षा, पर्यावरण संरक्षण आनी देशांतर्गत संरक्षण उत्पादनाक चालना मेळटली अशे मुखेलमंत्री डॉक्टरप्रमोद सावंत हाणीं म्हळां

रश्मी 230

Viksit Bharat- Guarantee for Rozgar and Ajeevika Mission (Gramin)) Bill, 2025 क गोंय सरकार येव्कार दिता अशे मुखेंमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. १२५ रोजगाराची हमी, ग्राम रोजगार कार्ड वरवी, बायलां, काम करपाक इत्सुक आशिल्ले ज्येश्ठ नागरीक, आदिवासी, तशेच गरजु घटकांक ह्या येवजणेवरवी काम करपाक संद मेळटली. ४ विभागात कामाची विभागणी केला. तांतुंन उदकांखातीर बांद ,पावसाचे उदक आडोवपाचे प्रकल्प, तशेंच उदकाविंशी हेर ल्हान प्रकल्प, कच्चे रस्ते पक्के करप, मनीस कुशळटाय प्रशिक्षण दिंवन उपजिविका दिवपी रोजगार, आपत्कालिन वेळाक उपेगात येवपी साधन सुविधा उबारप, झीज जावपी दर्यादेगाची राखणी वणत बांदप ह्यो सुविदा उबारपाचे कामा हातीन घेतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

वी- बी जी राम जी येवजण 60 टक्के केंद्र सरकार - जाल्यार 40 टक्के निधी राज्य सरकार अशा भागिदारीन पद्धतीन ही येवजण गोंय सरकार चालीक लायतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

जी राम जी येवजणेचो पोर्टल पळयत जाल्यार फाटल्या तीन वर्साच्या काळात गोंयांत भ्रस्टाचार जांवक ना अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. आतामेरेन २०२२-२०२५ मेरेन ८०० परस कामा हातात घेतला. हांतुतली १५० कामा पुराय जाल्यात.गांवगिऱ्या वाठाराची उदरगत करपाक गावगिऱ्या वाठारातल्या लोकांक अर्थिक सक्षम करप, शेतकारांक लेगीत ह्या येवजणेवरवी शेतान काम करपाक मजत जातली अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. गोंयच्या सगल्या पंचायतीन गोंय ग्रामीण उदगरत यंत्रणाच्य ह्या येवजणेचो लाव घेवचो अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.

शेतकी हंगाम सुरु आसतना ६० दिस हेर कामां बंद दवरुन शेताक लागपी कामगार ह्या काळात दिवपाची तजवीज ह्या येवजणेत राज्य सराकराकडे आसा अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

हवामान 25

फाटले कांय दीस गोंयांत शीं वाडलां. पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान ३3 .8 डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान १७.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

स्पोर्ट्स 20

चेन्नयांत जाल्ल्या 11व्या राष्ट्रीय सिनियर लागोरी चॅम्पियनशिपांत दादल्यांच्या गोंय पंगडान वास्तद्पण जीखले जाल्यार बायलांचो पंगड उपविजेतो थरालो.